आकाशवाणी पणजीच्या

राष्ट्रीय खबरो

**5th July 2026** **6.30 p.m.**

**LNG shipments**

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शांत झुजबंदी जाले उपरांत होर्मुझ सामुद्र धुनींतल्यान द्रवीकृत सैमीक वायू म्हळ्यार liquefied natural gas म्हालाची येरादारी परतून सुरू जाल्या देखून सरकारान सैमीक वायू पुरवणेचेर आणीबाणीची बंदी फाटीं घेतल्या. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान अधिसुचोवणेंत सांगलां की, सैमीक वायू (पुरवण नियमन) आदेश, 2026 त दुरुस्ती करून सरकाराक देशांतल्यान तयार जावपी सैमीक वायू आनी आयात केल्ल्या LNG च्या वाटपाक प्राधान्य दिवपी मुखेल आणीबाणीची तरतुदी काडून उडयल्या. होर्मुझ सामुद्र धुनींतल्यान LNG म्हाल धाडपाक आडमेळीं आयले उपरांत गरजेच्या वस्तू कायद्या खाला अंदू मार्चांत हो आपत्काळींन आदेश जारी केल्लो.

**PM-JAKARTA**

फाल्यां सावन सुरू जावपी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या इंडोनेशिया भेटींतल्यान दोनूय देशां मदल्या सद्याच्या संबंदाक चालना मेळटली . आयज जकार्ता हांगा आकाशवाणीक दिल्ले मुलाखतींत इंडोनेशियांतले भारतीय राजदूत संदीप चक्रवर्ती हांणी सांगलें की

**Shivraj Singh Chouhan**

विकसित भारत - रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन), VB-G RAM G कायदो 2025, ह्या म्हयन्याच्या पयल्या दिसा येसस्वीपणान लागू जाल्ल्यान केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहाना हाणी खोस उक्तायल्या. मंत्रीमंडळान आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग माध्यमातल्यान मिशनाच्या अंतर्गत राज्यांक 25 हजार कोटी रुपयां वयर, पयल्या वाट्याचे वितरावप केलें. चौहान हांणी सगळ्या राज्यांच्या आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या ग्रामीण उदरगत मंत्र्यां कडेन VB-G RAM G चालीक लावपाचो नियाळ घेतलो. राज्या कडेन फावो तो निधी आसून 15 दिसां भितर पगार दिवंक मेळटलो असो आयज जाहीर केल्ल्या पयल्या हप्त्याचो हेत जावन आसा अशें तांणी सांगलें. (Byte)

**Meta**

सोशल नेटवर्किंग साइट – इंस्टाग्रामाचेर, फारीक केल्ल्या जायरातींतल्यान भुरग्यांचे लैंगीक शोशण आनी अनुचित म्हायतिचेर सरकारान META k खर नोटीस जारी केल्या. सरकारान इंस्टाग्रामाक अनुचित म्हायतीचो प्रचार आनी प्रवेश मेळोवपाक सुविधा दिवपी सगळ्यो जायराती आनी सामुग्री अक्षम करपाचो आदेश दिला , अशें अधिकृत सूत्रांनी सांगला. सात दिसां भितर मेटा कडल्यान सविस्तर स्पश्टीकरणाची मागणी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान केल्या. इंस्टाग्रामान

भारताच्या मध्यस्थ सुरक्षिततायेच्या मार्गदर्शक तत्वांक स्वीकारला काय ना हाचेर सरकार नियाळ घेता.

## Teejan Bai

पद्मविभूषण पुरस्कार फावो जाल्ल्यो नामनेच्यो पांडवणी गायिका डॉ तीजन बाई हांकां आयज दुखेस्त मरण आयले. दुयेंस आशिल्ल्यान AIIMS रायपूरांत बरोच तेंप तांचेर उपचार सुरू आशिल्ले. आपल्या प्रभावशाली आवाजान, माचयेर आकर्षक हाजिरी आनी वेगळी कथन शैली आशिल्ल्यो तीजन बाई हांणी पांडवणीक भारतातूच न्हय तर आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार एक नवी वळख दिली. भारतीय लोककलेंत तिणें केल्ल्या योगदानाची वळख करून दिवन पद्मश्री, पद्मभूषण आनी पद्मविभूषण ह्या पुरस्कारांनी सरकारान तांका भोवमानीत केल्ले राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायलां.

## IMD

भारत हवामान खात्यान आयज गुजरात, कच्छ, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी ओडिशा ह्या वाठारांनी उटांगराचो पावस पडपचे शक्यताये खातीर रेड अलर्ट जारी केला. महाराष्ट्रांत फाटल्या 24 वरांत राज्यांतल्या जायत्या वाठारांनी व्हडl प्रमाणात पावस पडला आनी ताका लागून जाग्या जाग्यांचेर उदक साठवला, झाडां हूमटून पडल्यात, न्हंयांची पातळी वडल्या आनी धरण आनी जलाशयांत उदकाचो सांठो वाडला.

## T20 Women World cup

आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचष सर्तींत आयज लंडनांतल्या लॉर्ड्स क्रिकेट मैदानाचेर निमण्या खेळांत इंग्लंड आनी ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. हो खेळ रातच्या ८ वारांचेर सुरु जातलो